# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>

ता. 4 सप्टेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 59 व्या शिक्षक दिसाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या शिक्षक वर्गाक ह्नदह्नीत परबीं भेटयल्या. भारताचे पयले उपराष्ट्रपती, शिक्षणतंज्ञ आनी म्हान शिक्षक डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांचो जल्म दीस शिक्षक दीस म्हूण मनयतात. शिक्षक दीस मनयतना आमी तांका आदरांजली ओपतात आनी राष्ट्राच्या बांदावळीत शिक्षकांकडल्यान मेळपी योगदानाचो उगडास करतात.

आयच्या ह्या प्रसंगार हांव गोंयच्या शिक्षक वर्गाक डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या कडल्यान प्रेरणा घेवन समर्पित आनी वचनबद्दतेच्या भावनेन आपले कर्तव्य निभावपाचो उलो मारता, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/438

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA